Date: 28/03/2026 राष्ट्रीय खबरो 6.30 PM
Panaji National 28 march 2026 6:30 am

*प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी – नोयडा*

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज उत्तर प्रदेशांतल्या गौतम बुध्द नगर जिल्ह्यांतल्या नोएडा आंतरराष्ट्रीय विमानतळाच्या पयल्या टप्प्याचें उक्तावण केलें.
विकसित यूपी, विकसित भारत मोहिमेंत हो एक नवो अध्याय आसा अशे ह्या वेळार उलयतना प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलें.
भारतांत सगळ्यांत चड आंतरराष्ट्रीय विमानतळ आशिल्ल्या राज्यांत उत्तर प्रदेश आतां एक राज्य म्हणून उदेलां अशेंय ताणी म्हणला.
जेवर विमानतळ उत्तर प्रदेशाचे प्रगतीचें आनी उदरगतीचें प्रतीक जातले अशी आस्त तांणी उक्तायल्या.
Byte
हो विमानतळ शेतकारांक, उद्योजकांग, आनी अस्तंत उत्तर प्रदेशांतल्या तरणाट्यां खातीर जायत्यो नव्यो संदी हाडटलो अशें ताणी सांगले

*Amit shah*

केंद्रीय घरमंत्री अमित शाह आयज कोलकातांतल्या जोनोगोनर चार्जशीट कार्यावळींत वाटेकार जाले. प्रसार माध्यमांकडेन ऊलयतान अस्तंत बंगालांतल्या बेकायदेशीर स्थलांतर, हिंसा आनी अर्थीक संकश्टाचेर तांणी भर दिलो.
Byte
अंदू अस्तंत बंगालचे विधानसभेची सार्वत्रिक वेंचणूक फकत बंगालांत न्हय तर देशाकय खूब म्हत्वाची अशें अमित शाह हाणी स्पश्ट केलें.
भारतांत फकत पांच ते धा दीस पावंसारखो तेल सांठो उरला अशें सांगपी सोशल मिडिया पोस्टाचे सरकारान खंडन केलां. देशांत खंयच पेट्रोल, डिझेल, एलपीजीचो उणाव ना अशें ताणी म्हणला. नागरिकांनी भियनास्तना फकत इंधन आनी गॅस उपलब्धतायेसंबंदी अधिकृत सरकारी सुत्रांकडल्यान जारी केल्ल्या म्हायतीचेर आदारून रावचें असो सल्लो सरकारान दिला.

गुजरातांत एक दशका उपरांत, कच्छांत, लुप्त जावपी ग्रेट इंडियन बस्टर्ड (जीआयबी) ह्या पिलाचो जल्म जाल्ल्याचें केंद्रीय मंत्री भूपेंद्र यादव हाणी जाहीर केलां.
जंपस्टार्ट ॲप्रोच ह्या नव्या संवर्धन उपायांतल्यान हे साध्य जाला अशे शेनवारा सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत पर्यावरण, रान आनी हवामान बदल मंत्री भूपेंद्र यादव हांणी सांगलें. धोक्यांत आशिल्ली ग्रेट इंडियन बस्टर्डांची संख्या परतून मेळोवपाच्या जायत्या पांवड्यांतलो हो एक यत्न आसा हाचेर तांणी भर दिलो.

24 मार्चाक प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांचे मदीं जाल्ल्या दूरध्वनी संवादांतल्यान दोनूय फुडाऱ्यांक अस्तंत आशियांतल्या परिस्थितीचेर विचारविनिमय करपाची संद मेळ्ळी अशें मंत्रालयाचे म्हणयारे रणधीर जयसवाल हांणी सांगलें.

खेळ

एकुणिसावे इंडियन प्रिमियर लीग क्रिकेट आयज सांजवेळा साडे सात वरांचेर बेंगळुरूंत सुरू जातले सुरवातीच्या मॅचींत डिफेंडिंग चॅम्पियन रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू आनी सनरायझर्स हैदराबाद या पंगडा मदिं एम.चिन्नास्वामी मैदानाचेर खेळ जावपाचो आसा.

जम्मूंत फाल्या पयले आंतरराष्ट्रीय मॅरॅथॉन सर्तीचे उक्तावण जातले. हे सर्ती खातीर सुमार चार हजार धावपी सर्तकांक जम्मू येवकार दिता.

हवामान

भारतिय हवामान खात्यान फाल्यां मेरेन ईशान्य राज्यांनी व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. फाल्यां छत्तीसगड, मध्य प्रदेश आनी विदर्भान गडगड आनी गारांचे वादळ येवपाची अदमास आसा. ह्या म्हयन्याच्या 29 तारखे मेरेन दिल्ली, पंजाब, राजस्थान, हरियाणा, चंडीगढ, उत्तराखंड, छत्तीसगढ़, बिहार, आनी अस्तंत उत्तर प्रदेशाचेर गडगड आनी जोगला पडपाचो भारतीय हवामान खात्याचो अदमास आसा